# तातो : भुरगेपणांत एक उगडास-भोंवडी

माधवी सरदेसाय

सविता परस हांव फकत इकरा म्हयने आनी स दिसांनी ल्हान. सवाय वर्साच्या सविताक आनी तीन म्हयन्यांच्या म्हाका घेवन आवय पोर्तुगालच्यान गोंयां आयली. पिरवळा, तिच्या कुळारा, तीन वर्सां उरली. ''म्हज्या जिवितांलो खूब आनंदाचो काळ हो,'' तिणें खूब फावटीं म्हणचें, ''तुमी दोगांय बरोबर वाडटालीं. हे वाडींत भाग घेवपांत कितलें सूख आसता जाणा...?''

सविताक 'कळटालें'. आवयची मानसीक गरज चड ताका आशिल्ली. म्हूण सविता मामाचें (म्हजे आवयचें) आनी हांव माँचें (गोदुबायचें) अशी 'वांटणी' जाली.

उपरांत म्हज्या बापायक मुखावेल्या शिक्षणा खातीर अमेरिकेक (कॅलिफोर्निया) वचपाक स्कॉलरशिप मेळ्ळी. मामान आमकां घेवन सरळ कॅलिफोर्निया वचप अशें थरलें. तेन्ना खंय बाबान (म्हज्या आज्यान) म्हळें, ''जयवंताची पीएच्डी जातकच तीन-चार वर्सांनी तुमी गोंयां परतुपाचींच आसात. धाकल्याक हांगा दवरून वच. घर भरिल्लें उरतलें.'' मामा सविताक घेवन अमेरिकेक गेलें. तेन्ना हांव सवाय तीन वर्सांचें.

पोर्तुगालच्यान आयिल्लें तेन्ना सविता खंय म्हाका 'इरमा' (म्हळ्यार, पोर्तुगेजींत ''भयण'') म्हणटालें. 'इरमा'चें 'मान' जालें, आनी 'माना'चें 'नान'. ह्या 'नाना'चींय आनीक कितलींशीं अपुर्बायेचीं रुपां - माँचें 'नानू', बाबाचें 'नानुली' आनी तातोचें 'नानुडी'. पिरवळच्या वाटारांत 'नानू' धरलें. भोंवतणीं चार पांच तरी (पुल्लिंगी) 'नानू' आशिल्ले. (आमगेर वावराक येवपी एकलेच्या घोवाचेंच नांव नानू आशिल्लें. म्हूण ती म्हाका नांवान केन्ना उलो मारी नाशिल्ली. 'एय!' वा 'आगो' म्हणटाली.)

तातोन म्हाका म्हणचें, ''आमकां सगल्यांक एक आवय, एक बापूय. तुकाच एकल्याक दोन आवयो, दोन बापूय, श्रीकृष्णा बशेन...''

चार वर्सांचे पिरायेर तातोन म्हाका बरोवंक वाचूंक शिकयलें (कोंकणींतल्यान). मुंबय, दिल्ली गेल्ले कणकणी तो म्हजे खातीर भुरग्यांचीं मराठी, हिन्दी पुस्तकां हाडटालो - रंगीत रंगीत चित्रांचीं. तांचेर म्हजें नांव बरोवंक म्हाका खूब आवडटालें. पुस्तकाच्या पयल्याच पानार उजवे वटेन वयर हांवें बरोवचें - ''नानू रवीन्द्र केळेकार.''

केन्नाय केळेकारांच्या मूळ घरा (सुमंतमामागेर) वतालें तेन्ना घारुदादान (सुमंतमामाच्या बापायन) म्हाका पळोवन अपुर्बायेन म्हणचें, ''ही पळे, आयली सरदेसायण!'' आयकून म्हाका भितल्ल्यान जाणटेल्याची तिडक शी येवची.

मर्दी मर्दी अमेरिकेच्यान म्हजे खातीर कपडे, खेळ, मेणाचे रंग बी हांचीं पार्सलां येवचीं आनी

वांगडा सविता, आंकूं (म्हजो बापूय), मामाचे थंयचे रंगीत रंगीत फोटे. तातो-मॉंनूय केन्नाय गांवच्या फोटोग्राफराक आपोवन म्हाका बरेंऽ न्हेसोवन, म्हऱ्यांत तामरेत, तिचेर फुलांचो व्हाज बी दवरून केल्ल्या 'इन्स्टॉलेशनां'चे फोटे काडून अमेरिकेक धाडचे. तेन्ना आमगेर वावराक येवपी शांतूक म्हाका तिडावंक एक मुद्दो मेळचो - ''आतां तातो तुका अमेरिकेक धाडपाचो आसा विमानांतल्यान. मोगाबाय तुका पार्सलां धाडटा तशींच भुरग्यांचीं पार्सलां करून भायर धाडटात, जाणा मगो? पार्सलाचेर भुरग्याचो फोटो चिकटायतात...'' पूण म्हजो तातोचेर पुराय विश्वास - 'म्हाका सांगी नासतना तातो अशें केन्नाच करचोना... शांतू फट उलयता...'

फोंडू म्हूण एकलो आमगेर लाकडां फोडूंक, नेमां मारूंक बी येतालो. ताणें म्हाका 'पोसक्या-' म्हूण उलो मारचो आनी म्हणचें, ''तातोन तुका मोगाबाय कडल्यान सूपभर कुंड्याक घेतिल्लें.'' हांवें मागीर फोंडू कडेन झगडुचें.

एक दीस तातोन मॉंक म्हळें, ''नानूक अशें तिडावन झगडूंक मुखार काडप बरोबर न्हय... भुरग्याची शक्त अशी वाट लागूंक जायना. हांगा एकलें जाता तें. ताच्या वयाचीं भुरगीं नात घरांत...''

हांव तेन्ना अशें तशें पांच-साडे पांच वर्सांचें आसतलें. हीं उतरां कानार पडलीं तेन्ना दिसलें, कितें तरी वांकडे घडलां... फोंडू म्हजे परस पिराय़ेन कितलोसो व्हड आनी हांव ताचे कडेन झगडटां... ताका 'फोंडलो तूं' ... 'फोंडको तूं' ... 'दुकर तूं' बी म्हणटां तें सामकें वायट - म्हाका भितल्ल्यान जाणवलें आनी लज लज जाली. तातोक राग आयला काय म्हजो, होय हुस्को जालो. तातो म्हऱ्यांत वचून बसलें, पूण तो रागार बी अशें कांय दिसलेंना.

रोखडोच एक बदल घडलो -

सुमंतमामालें सुजू आनी गांवच्या अनंत घाडयालें फुलें आमगेर दीसभर रावंक येवंक लागलीं. म्हजो संवसार बदल्लो. दीस पडसर तांचे बरोबर खेळप. तीं घरा वतकच तातो-मॉं, बाबा-बाईची याद जावप - हो म्हजो नवो रुटीन जालो. फोंडून 'पोसक्या - ' म्हळ्यारूय मागीर हांवें कानार केंस काडप...

भुरगेपणांत वांयगें म्हाका सामकें आवडऽ नाशिल्लें. भर्ताची तर वीट दिसताली. तातोन म्हणचें, ''भर्त तुका आवडना, आनी आमी सगळीं भर्त खातात तीं कितें पिशीं? सुजू खाता, फुलें खाता...''

हो 'युक्तिवाद' म्हाका कसो पटलो, कोण जाणा, हांव भर्त खावंक लागलें. बाकीच्या शाण्यां बशेन शाणें जालें.

वाचूंक-बरोवंक हांव खूब बेगीन शिकलें. तेन्ना भुरग्यांनी वाचपाचीं कोंकणी पुस्तकां खंय आशिल्लीं?! तातोन म्हजे खातीर मराठी 'चांदोबा', 'फुलबाग', 'चंपक', 'कुमार' आनी हिंदी 'लोटपोट' हीं नेमाळीं घेवचीं. तांतल्यो काणयो वाचून दाखोवपाचें काम मॉं करतालें. हाका लागून मराठी, हिंदी भासोय शिकून जाल्यो. मुखार हांवूच हीं नेमाळीं वाचूंक लागलें. सुरवात 'चांदोबा' सावन केली. 'चांदोबा'तलो मजकूर दोन कॉलमांनी आसतालो. म्हाका कॉलमांची तेन्ना वळख नाशिल्ली. हांवें काणी सरळ आडवी वाचची. पूण अर्थ लागऽ नाशिल्लो. एक दीस म्हजे म्हाकाच कॉलमाचो सोद लागलो, आनी काणीय बरीच कळ्ळी. मागीर 'चांदोबा', 'फुलबाग', 'चंपक'... वाचपाक साहित्य उणें पडूंक लागलें.

श्यामसुंदर वि. देसाईंच्या म्हाड्डोळच्या दुकानार (ह्या दुकानाच्या दाव्या अर्दान पिठाची गिरण आशिल्ली म्हूण पुराय दुकानाक आमी 'गिरणीर' म्हणटालीं) मराठी काणयांचीं ल्हान ल्हान पुस्तकां येतालीं. आठ आणे, बारा आणे, रुपया मोलाचीं. पुस्तकांचीं नांवां अद्‌भूत, ओडलायणीं - 'एकशिंगी राक्षस', 'एका भुताची गोष्ट'... बी. तातोन मुंबयच्यान बी म्हाका *पंचतंत्र, इसापनीति, रुमीच्या नीतिकथा,* राजाजीचें *रामायण, महाभारत*, सानेगुरुजीलीं बरपां बी हाडचीं.

साने गुरुजी वाचतकच दोळ्यांत दुकां येतालीं. 'ही खरी घडिल्ली गजाल न्हय' म्हूण मनाक पटयलें जाल्यारूय. निमाणें तातोक सांगलें, ''साने गुरुजी सामको रडवो लेखक. म्हाका तो आवडना...'' आयकून तातो खळखळून हांसलो.

एक दीस तातोक विचारलें, ''तातो, गिरणीर वचून म्हाका जाय तसलीं पुस्तकां हाडूं?'' तातो उमेदीन उठलो आनी मेजाचो खण उकतो करून पाकिटांतले धा रुपया काडून म्हजे कडेन दिले. तेच सांजे शांतू बरोबर गिरणीर वचून चडांत चड 'मसालेदार' माथाळ्यांचीं कितलीशीं पुस्तकां घेवन आयलें. तातोक दाखयलीं तेन्ना ताणें म्हळें, ''चल! मार फॉल्ग! हींय पुस्तकां वाचप, हांव हाडून दितां तींय वाचप...''

दोन-एक वर्सां भुतां-राक्षसांच्या संवसारांत उरलें. मागीर बंकीमचंद्र, शरत्‌चंद्र- मराठींतल्यान पुराय वाचून काडले. तेन्ना कितलें समजतालें, आज सांगूंक येवचेंना. पूण जीव कथानकांत रमतालो, मदीं मदीं दोळे दुकांनी भरताले... कितले बरे बरयतात हे, अशें दिसतालें. पूण, कोणा परस कोण चड बरो बरयता, म्हाका कळना; केन्ना कळटलें, होय हुस्को जातालो.

बाबा भायर पडला तेन्ना हांव आठ वर्सांचें. बाबानूय म्हज्या वाचनाची बारीकसाण घेवची. ''आज कितें वाचलें, सांग पळोवया,'' म्हणचें आनी हांवें मागीर ताका कथानकां सांगचीं.

एक दीस बाबान म्हळें, ''रवीन्द्रा कडल्यान विवेकानन्दाचें मराठी चरित्र घेवन यो, चल...'' तातो कडल्यान पुस्तक हाडून बाबाक दिलें. बाबान म्हळें, ''आयच्यान सद्दां ह्या पुस्तकाचीं दोन-तीन पानां म्हाका वाचून दाखोवप...'' बाबा तेन्ना हांथरुणार आड पडूनूच आसतालो. हांवें थारायल्ल्या वेळार बाबा म्हऱ्यांत बसून विवेकानन्दाचें चरित्र ताका वाचून दाखोवप.

''मोठ्यान वाचिल्लें सारकें समजना रे म्हाका, बाबा...'' एक दीस ताका सांगलें. बाबान म्हळें, ''समजना थंय राव आनी विचार म्हाका.'' खरें म्हळ्यार, चरित्रांत मन रमऽ नाशिल्लें...

एक दीस तातोक सांगलें, ''बाबा वाचूंक लायता तें पुस्तक आवडना म्हाका... तूं सांग ताका, दुसरें पुस्तक वाचूंक दी म्हूण म्हाका...'' तातोन म्हळें, ''बाबाच्यान आड पडून वाचूंक जायना. तूं नात ताची. चोवीस वरांतलें फकत अर्द-पाऊण वर तो तुजे कडेन मागता. दिवप तें ताका... वाचता तें सगलें समजलेंना जाल्यारूय कितें तरी शिकतलेंच तूं हातूंतल्यान...''

तातोच्या उतरा भायर कशें वतलें? बाबा म्हन्यांत बसून विवेकानन्दाचें पुराय चरित्र वाचून काडलें.

हांव णव-साडे णव वर्सांचें आशिल्लें तेन्ना सविता, मामा वर्साच्या विजयाक घेवन गोंयां आयिल्लीं. सविता सुंदर सुंदर इंग्लीश, स्पॅनीश पुस्तकां घेवन आयिल्लें. "तूं कसलीं पुस्तकां वाचता, दाखय-" सवितान म्हळें तेन्ना हांवें ताका म्हजीं पुस्तकां दाखयलीं. तांचेर एक नदर घालून सवितान म्हळें, "तूं चड बेगीन जाणटें जालां..."

बरोवंकूय हांव खूब बेगीन लागलें. तातो मुंबय दिल्ली वतालो तेन्ना म्हजे खातीर धाकटुले वळींचे कादेर्न हाडटालो आनी म्हणटालो - "हाचेर आतां नेमान दिसपटी बरय..." हांव उमेदन दिसपटी बरोवंक सुरू करतालें. (कादेर्न नवो आसतालो मेरेन ही उमेद उरताली.) दिसपटयेंतल्यो नोंदी अश्यो आसताल्यो - "आज सकाळीं उठ्ठकच तातो बरोबर पारजतां पुंजायलीं. कांय कृष्णाक, कांय बुद्धाक आनी कांय ख्रिस्ताक घालीं. मागीर तातो पेपर वाचूंक बसलो. हांवें ताका ताचें वक्ल व्हरून दिलें... आज हांवें फोंडूक 'दुकर' म्हळो (फोंडू बदला केन्ना 'शांतूक' वा 'भारतीक'...) भारती बरोबर बुर्रांनी खेळ्ळें..." 'आज अमकें केलें, तमकें केलें' हाचे भायर ही दिसपटी केन्ना गेलिना. तरी तिका लागून बरोवप जिविताचो वांटो जालें. अजून हांव दिसपटी बरयतां. नेमान नाका बरोवं, पूण खंयूय वचूं वांगडा ही दिसपटी आसता.

आमगेर एक सुणो आशिल्लो. आल्सेशियन मिक्स. सामको 'म्हजो' सुणो. नांव तातोनूच दवरिल्लें - 'सुलतान'. 'सुलताना'चें आनीक मातशें 'पेजादीकरण' जावन 'सुलतांव' जाल्लें. अनान सुलतांवाचेर एक कवन करून म्हाका धाडिल्लें - "एक आशिल्लो कांव/ताचें नांव सुलतांव" अशी कितें तरी ताची सुरवात...

म्हाका केन्नाय सुजूगेर वचन दिसल्यार आनी थंय म्हाका पावोवंक कोण नासल्यार माँ सुलतांवाक म्हजे बरोबर धाडटालें (तेन्ना पिरवळचे रस्ते डामरी नाशिल्ले आनी रस्त्यांचेर येरादारीय व्हडलीशी नासताली). सुलतांव म्हजे फाटल्यान चलत वतालो. वाटेर कोणेंय म्हाका हडकिल्यार गुर्रऽऽ करतालो. एक खेपे सुमंतमामान शिक्षा सदन शाळेच्या गॅदरिंगाक एक कोंकणी नाटक बसयल्लें. तातूंत म्हाका ल्हानशें काम दिल्लें (झगडुपाचें शें). हांवें स्टेजीर पावल दवरलें आनी फाटोफाट सुलतांवानूय अँट्री घेतली. स्टेजी वयलीं सगलीं काचाबूल. सुलतांवाच्या नेटार हांवें म्हजें काम झेतान केल्लें...

हो सुलतांव जाणटो जावन एक दीस मेलो तेन्ना म्हाका खुब्ब दुःख जालें. रड रड रडलें. तातोक सांगलें, "ताका पुरप नाका... असोच दवरुया..." तातोन म्हळें, "अशें कशें जातलें? मागीर ताका धाणी मारतल्यो, किडे पडटले. हें तुज्यान पळोवंक जातलें?... आमी ताचें मरण व्हडलें करुया..." मागीलदारांत हळडुवीं, केसरी गोंणीं रोजां रोयिल्लीं. तातोन आनी हांवें सगलीं रोजां खुंटलीं. सुलतांवाचो फोंड रोजांनी सुंदर सजयलो. फोंडाचेर मर्दी यादीक म्हूण एक चिन्या फातर दवरलो... पूण तरी, आतां मुखार कितें...? "तातो, म्हाका असलेच दोन सुणे जाय..." हांवें म्हळें आनी तातोन रोखडीच 'हाडुया' म्हूण जाप दिली. (एका सुण्याचें दुःख निवळावंक दोन सुणे हें गणीत म्हाका आयजूय कळना.)

बेळगांवां बाबुश्या धुम्याक रकाद गेलो. ताणेंच सुलतांवाक हाडिल्लो. कांय दिसांनी बाबुसो धुमो बेळांच्या कंड्यांत दोन सुण्यां पेटे घेवन आमगेर हजर जालो. एक दादलो, एक बायल. दादलो काळो, बारीक ल्हंवेचो. बायल धवी, व्हडले ल्हंवेची. सुण्यांची जोडी पळोवन बाईच्या (आजयेच्या) कपलाक पयलीं आंटयो पडल्यो. "सुण्यांचीं व्हितां काडीत रावचें पडटलें," तिणें माँक म्हळें. तातोन तांकां नांवां दवरलीं - हाचिको आनी मिचिको. हाची आनी मिची. तेन्नाच तातो जपाना सावन परतल्लो. हाचिको जपानच्या फामाद स्वामीभक्त सुण्याचें नांव. (*जपान जसा दिसला*त तातोन ताचेर बरयलां.)

कांय दीस हांव हाची आनी मिची वांगडा खेळ खेळ खेळ्ळें. तरी सुलतांवाची याद येतालीच. चड करून ताच्या दोळ्यांची (अजून ते हांव विसरूंक ना), आनी एक दीस, सोरुबाय (म्हजी मावशी) मिचीक आपणागेर घेवन गेलें. ताचे वंशज अजून आकारांत ('आकार' - सोरुबाय रावतालें त्या म्हाड्डोळाक तेंकून आशिल्ल्या वाड्याचें नांव) आसतले...

भुरग्याकूय व्यक्तिमत्व आसता, ताकाय मत आसता अशें मानपी तातोगेर म्हजी वाड जाताली. ह्या वातावरणांत म्हजींय कांय 'स्पश्ट मतां, घडिल्लीं.

आमगेल्या घरा फाटल्या जाग्यार केळी रोयतालीं. घडावलें जून जातकच तें काडटना केळ मारतात तें म्हज्यान पळोवं नजऽ जातालें. "भुरगें मेळ्ळें म्हूण आवयक मारप? तामरेतीर उबें रावन घडावलें काडूंक जायना?" हांवें एक दीस तातोक विचारलें. तातो तोखणायेन सो हांसलो. ते उपरांत म्हजे उजीर केन्ना कोणें केळ मारून घडावलें काडलें ना. (तातोचें तशें इन्स्ट्रक्शन गेलां आसुये...)

केळूच न्हय, खंयचेंय झाड, वा आंब्या सारकेल्या रुखाचो व्हडलो ताळोय मारप म्हळ्यार म्हजो बोवाळ पडटालो.

आमगेल्या मागीलदारांत एक व्हडली पोपाय आशिल्ली. खूब वर्साची जाणटी पोपाय. एका गिमांत ती घरा वेटेन सामकी लंवडून आयली. बाईन पारखिलें, अंदू पावसांत पोपाय पडटली. तिणें सोमतेच पोपाय मारूंक मानाय सांगले. मानायांक राजू, कुराड बी घेवन आयिल्ले पळोवन म्हजेर सामको आकांत आयलो. रडत हांव सरळ 'हाय कमांडा' म्हन्यांत गेलें. तातो बरोवंक बशिल्लो. उठून नीट मागीलदारा आयलो. 'आसूं, पोपाय आज मारप नाका' सांगून ताणें मानायांक परतिले. हांव सामकें खूश! तातो परतो कुडींत वतकच बाईन मात म्हळें, "रवीन्द्र वाट लायतलो तुजी, असल्यो नाका जाल्ल्यो अपुरबायो करून...!"

हे 'अपुरबाये'ची नोंद आनीक एकल्यान घेतिल्ली - बोरयेच्यान केन्नाय आमगेर येवपी म्हज्या बापायच्या मामान - हरीमामान. म्हाका पळोवन ताणें मोठ्ठे दोळे करून गंभीर नुरेन म्हणचें, "अपुरबाय! अपुरबाय!" हांवें मागीर ल्हवू ताचे म्हन्यांतल्यान कूस मारची. (म्हजें धाकलें अदिती सात-एक वर्सांचें आशिल्लें तेन्ना एक दीस मर्दींच ताणें म्हाका विचारलें, "मम्मा, ल्हानपणांत तातो तुज्यो खूब अपुरबायो

करतालो गे?'' ''हय तर!'' हांवें म्हळें. ''पूण तरी तुजी वाट लागूंक ना मगे, कशी ती?'' ताचो फुडलो प्रस्न.)

पयल्याच पावसाक पोपाय कोंसळ्ळी. तीय बी पाख्यार. कितलेशे नळे फुटले आनी रांदचे कुडी भायले वासरेर सगळ्याक उदक जालें.

तातोन, माँन म्हाका कांय म्हळें ना. बाईच्या वासाक मात दोन दीस हांव रावलें ना. म्हजी चूक होलमून कांय दीस जीव चोरा वरी जालो. पूण तरी, 'केन्ना केन्ना झाडां मारुंकूय जाय' ह्या मताचें मात हांव जालें ना!

तातोन आमगेर एक शाळा घाल्ली - 'नवी शाळा'.

ही शाळा खास म्हजे खातीर घाल्ली म्हळ्यार जाता. पूण हें म्हाका मागीर कळ्ळें. कोंकणीवाद्यांचीं भुरगीं सगलीं मराठी शाळांनी वतात; तांची कोंकणी फकत भौसा खातीर, भौस अडाणी उरचो म्हूण, अशी टिका तेन्ना जाताली. म्हजी शाळेंत वचपाची पिराय जाली तेन्ना तातो शिक्षणमंत्र्याक वचून मेळ्ळो. ''म्हाका म्हजे चलयेक कोंकणींतल्यान शिकोवंक जाय, गांवांत कोंकणींतल्यान शिक्षण दिवपाची माग्णी करची'' म्हूण सांगलें तेन्ना शिक्षणमंत्र्यान खंय म्हळें, ''पयलीं पंदरा भुरगीं हाडात.'' त्या काळार पिरवळांत भुरग्याक कोंकणींतल्यान शिकोवपाची तयारी आशिल्ले पालक मेळप कठीण आशिल्ले. तातोन आमच्या घराचे एके चवकेरूच शाळा सुरू केली. एक कदेल-मेज आनी चार बांकांची. शिकपी आमी पांच-स जाणां. दोगां सुमंतमामालीं, एक हांव... शिकोवपी तिगां जाणां - अरुणाताई, प्रफुल्लताई आनी चित्रकला शिकोवपी सुर्लकार मास्तर. भास, भोंवतणचो संवसार (परिसर अभ्यास), गणीत आनी चित्रकला - चार विशय. 'देवा धनया पाव, आमचें बरें जावं...' ही प्रार्थना. मर्दी मर्दी तातो *आश्रम भजनावली* तलीं भजनांय शिकयतालो.

हे शाळेंतली एक याद-

एके परिक्षेक आमकां प्रस्न आयिल्लो - ''मोन्यांची भास कसली आसता?'' पुस्तकांत आशिल्लें - ''मोन्यांची भास कुरवांची आसता.'' हांवें हीच 'शिकपी भुरग्या'ची conformist जाप बरयली. सुजून बरयलें - ''मोन्यांची भास ऊं ऊं ऊं अशी आसता.'' वाचून तातो खूब हांशिल्लो. सुजूची ताणें पोटभर तोखणाय केल्ली. आमचे खंयचे तरी एके 'ताई'क म्हणिल्लें, ''कोंकणींतल्यान शिक्षण कित्याक तें कळ्ळें न्हय..?!''

म्हजे नदरेन मात तेन्ना सुजूची जाप चूक आनी म्हजी जाप बरोबर आशिल्ली...

पिरवळा आमगेर रातच्या जेवणा पयलीं ज्युस्त आठांक प्रार्थना जाताली. अजुनूय जाता. जाणटेपणांत तातो रातचें जेवण बेगीन घेवंक लागलो तेन्ना प्रार्थनेचो वेळ मातसो आयल्यान आयिल्लो. साडे सातांकूच तातो भायले चवकेर येवन बसूंक लागिल्लो. प्रार्थना म्हळ्यार, विनोबांचे *गीताईं*तल्या 'विश्वरूप दर्शना'चे बाबान वेंचिल्ले श्लोक, उपरांत विनोबांनीच गांथिल्ली 'नाम-माला' - संवसारभरच्या धर्मांतल्या देवांच्या नावांची माळ, आनी निमाणें, गांधी आश्रमांतलीं इकरा व्रतां - 'एकादशव्रत'.

तातो आपूण प्रार्थना केन्ना म्हणी नाशिल्लो. फकत दोळे धांपून बसतालो - प्रार्थने वेळार भुरग्यांनीय थंड बसून ती म्हणप हो नेम.

एक दीस प्रार्थना चलताली तेन्नाच ज्युस्त म्हाका कितें तरी येवजून येवन किटकिटो आयलो. म्हजें तोंड पळोवन माँकूय हांसूंक येवंक लागलें. तें हांसलें ना, प्रार्थना म्हणीत रावलें, पूण ताचें लक्ष प्रार्थनेंत ना हें तातोक कळ्ळें. कांय उलय नासतना तातो उठलो आनी कुडींत वचून बसलो. हांव भियेलें. दोळे धांपून उरिल्ली प्रार्थना हांवें सारकी म्हळी.

प्रार्थना जातकच जेवंक भितर वचप हो तातोचो नेम. कुडींतलो तातो भायर येना तें पळोवन माँ तातोक जेवंक आपोवंक गेलें. तातोन म्हळें, ''आज हांव जेवचों ना.'' ''आरे, आसूं आतां, चल...'' माँन सांगपाचो यत्न केलो पूण तातो कसोच बदलो ना. पुस्तक घेवन वाचूंक बसलो. आमी भितर वचून जेवलीं. जेवतना म्हज्या मनांत हुस्को - फाल्यां तातो म्हजे कडेन उलय नासतना रावल्यार...?

पूण तशें कांय जालेंना. आमची सकाळ सदचे वरी सुरू जाली. पारजतां वेंचून हाडून कृष्ण, बुद्ध, ख्रिस्ताच्या मुर्तींक घालीं. मागीर तातो पेपर घेवन बसलो. हांवें मेजा वेलें ताचें वक्ल ताका हाडून दिलें... रातचे घडणुकेचो तातोन उल्लेख पसून केलोना. हांवेंय 'चूक जाली' बी कांय म्हळें ना. पूण तेन्नाच्यान हांव जाता तितलें मना पसून प्रार्थना म्हणूंक लागलें.

पिरवळा खूब जाणांचें येवप-वचप आसतालें - बाकीबाब, लक्ष्मणराव, मनोहरबाब, शंकर भांडारी, आनाश्तास आल्मैद, मोहन कारापूरकार, लिगॉरियु कॉंता काल्वाल्य, चंद्रकांत केणी, नागेश करमली, अ.ना. म्हांबरो...

मनोहरबाब केन्ना केन्ना रातचोय रावतालो. तातो मागीर 'फॉर्मांत' येतालो. मनोहरबाब आनी दत्ताराम सुखठणकार - दोगांच म्हऱ्यांत तातोक हांवें मोठ्ठ्यान आनी मेकळेपणान हांसतना पळेला. दोतोर सुखठणकार आपूण गंभीर रावन दुसऱ्याक हांसोवपी. मनोहरबाबूय आपूण फकत मुमुरख्यांनी हांसपी. तातोचें मात खळखळून हांसप. तांचे म्हऱ्यांत बसून तांच्यो खबरी आयकूंक म्हाका आवडटाल्यो. अशें बशिल्लें आसतना मनोहरबाबान मर्दी मर्दी म्हजीय दखल घेवप. म्हाका म्हऱ्यांत ओडून बोल्सांतलो लेंस काडून ताचो हुंदीर करून तो उडयो कश्यो मारता तें दाखोवप. केन्ना केन्ना आपणाल्यो भुरग्यांच्यो कविता म्हाका म्हणून दाखोवप. तेन्ना मनांतल्या मनांत हांवें थारावप - हांवूय बी मुखार मनोहरबाबा बशेन जातलें. ताचेच बशेन फ्रँच शिकतलें...

मनोहरबाबाल्या *गोंया तुज्या मोगाखातीर* पुस्तकांतल्यो कितल्योश्यो कविता हांवें तोंडपाठ केल्ल्यो. केन्नाय मागीलदारांत गोठ्या पेले वटेन हांव एकलेंच हेडूंक वतालें तेन्ना हांवें ह्यो कविता बऱ्यो तालान आनी मोठ्यान म्हणप...

बाकीबाब लक्ष्मणरावा कडेन तातो अदबीन सो चलतालो. बाकीबाबान तर अखंड उलोवप आनी तातोन तन्मयतेन तें आयकप. माँन केन्नाय भितर येवन म्हणचें, ''कितलो उलयता गो बाकीबाब!'' म्हजी तेन्ना 'बडबड' म्हूण नामना. माँन मर्दी मर्दी अपुरबायेन म्हाका 'बाकीबाब' म्हणचें. एक दीस हांवें हें बाकीबाबाक सांगलें तेन्ना

बाकीबाब मना पसून हांशिल्लो.

म्हजो वाडदीस लागीं पावलो म्हणटकच तातोन विचारचें, "कोण कोण जाय तुका वाडदिसाक?" म्हजी जाप - "सुजू, फुलें, वंदन, मंदिरें... आनी बाकीबाब." फुल्याक, वंदनाक बी आपोवंक तातोन आनी हांवें तांगेर वचप. फुलें लागींच रावतालें. वंदनाचें घर वेलंगां. थंयूय आमी चलत वचप.

बाकीबाबान वाडदिसा दनपरांच येवप, म्हजे खातीर घमघमीत चांफ्यांचो एक पुडो घेवन.

"वाडदीस म्हळ्यार खाशेलो दीस... ह्या दिसा एक नवी थारावणी घेवन दीस खऱ्यांनीच खाशेलो करप..." अशें तातोन म्हाका सांगिल्लें तेन्ना हांव स वर्सांचें जावपाचें आशिल्लें. पूण तरी बोमांतल्यान दूद पितालें. तातोन म्हळें, "ह्या वाडदिसा सावन कॉपान दूद पिवपाक लागप..." म्हजेर संकट. तरी 'आं' म्हळें.

मडगांवच्यान, नुरुद्दीन मवानील्या दुकाना वेल्यान, तातो म्हजे खातीर एक तांबडेंच कॉप घेवन आयलो. (तेन्ना तांबडो म्हजो आवडटो रंग आशिल्लो.) वाडदिसा सकाळीं फुडें बरें पाटार बसून बी हांव त्या कॉपांतल्यान दूद पियेलें. कांय दीस हो नेम चल्लो... उपरांत मर्दीच परतो बोम सुरू जालो. हांवें मागलो म्हूण न्हय. मॉंच एक दीस तातोक सांगतालें तें म्हज्या कानार पडलें - "हालीं सारकें जेविना नानू. बोमान तरी न्हिदांतूय दूद घालूंक मेळटा..." जालें. 'थारावणी' विरगळ्ळी. म्हजें दुदाचें कॉप शिताच्या आदनाक पिंपांतले तांदूळ काडपाचें बाईलें माप जालें.

मुखावेल्या वाडदिसा पयलीं तातो परतोय म्हजे खातीर दुदाक एक मग घेवन आयलो. आपणाकूय तसलोच एक मग च्याक हाडलो. परतोय पाटार बसून दूद पिवपाचो सुवाळो. हे फावटीं तातोन सांगलें - "हे मुखार कोणेंय तुज्या हातांत बोम तेकोवं, घेवप ना तो ना." हांवूय निर्धारान रावलें.

निमाणें - सात वर्सांची 'घोडी' जालें तेन्ना बोम सुटलो!

फुडल्या वर्साची थारावणीय तातोनूच वेंचून दिली - कोणाक दुकर म्हणचेंना म्हणपाची. हें 'दुकर' म्हणप चडूच जाता हाची म्हाकाय जाणविकाय आशिल्ली. चंद्रकांतबाबाक (हांव ताका चंद्रकांतमामा म्हणटालें) भुरग्यांक तिडावपाचो गोस्त. एक दीस ताकाय ल्हवू आवाजांत "दुकर तूं" म्हणून हांव मेकळें जाल्लें. चंद्रकांतमामा वतकच तातोन म्हाका म्हणिल्लें, "आज तुवें म्हाका लजेक घालो. खूब वायट दिसलां म्हाका..." म्हज्या दोळ्यांत तेन्ना दुकां आयिल्लीं. आतां कितें करप, कांयच कळऽ नाशिल्लें तेन्ना तातोनूच म्हळें, "चंद्रकांतमामाक एक चीट बरय, 'चूक जाली, माफ कर' म्हूण सांगून." हांवें रोखडीच ही चीट बरयल्ली.

नवी थारावणी - (मनशाक) दुकर केन्ना म्हणप ना, ही - हांवें जतनायेन पाळ्ळी. एक दीस तातो कोणाक तरी व्हडविकायेन ही गजाल सांगतालो ती म्हज्या कानार पडिल्ली आनी आंगार मूठभर मांस चडिल्लें.

म्हज्या भुरगेपणांत तातो आपणाल्या वाडदिसा उपास करतालो. वाडदिसाचें 'म्हत्व' म्हाका कळूंक लागलें तेन्ना एक दीस हांवें हट्ट धरलो - "तातो, तूं उपास सोड..." निमाणें तातोन उपास सोडलो. सगल्यांत खोशी बाई जाल्ली. "हय! कसलीं पिशेपणां हीं!" म्हणत तिणें तातोच्यो आवडट्यो सांजोऱ्यो केल्ल्यो त्या वर्सा. म्हज्या achievementन हांवूय खोशी जाल्लें.

मुखार इल्लो इल्लो करून तातोचो वाडदीस आमचो दीस जालो. त्या दिसाची पुराय आंखणी आमीच करूंक लागलीं. तातोय मना पसून ह्या सुवाळ्यांनी भाग घेतालो, आमचे खातिरूच जाल्ले वरी, 'म्हाका अमकें आवडटा, अमकें आवडना', कांयच सांगी नासतना.

मामा बी गोंयां परतले उपरांत तातो एक खेपे, १९७२च्या डिसेंबरांत जावंक जाय, मॉंक घेवन म्हयनोभर दिल्लींत, सन्निधींत, राविल्लो. हेवटेन हांवें एक कविता बरयली, म्हज्या तेन्नाच्या समजा प्रमाण, क्रिस्तांव कोंकणींत. (लॉर्नाचीं कांतरां म्हज्या आज्याक खूब आवडटालीं. हीं कांतरां कानार पडिल्ल्यान म्हज्याय मनांत हे कोंकणीची ओड तयार जाल्ली.) हे कवितेच्यो (कवनाच्यो) पयल्यो दोनूच वळी आयज उगडासांत आसात -

*"ज्याकी पदेराले उंडे घट घट फातर*
*उंडे खातच मांय म्हुंटा ज्याकीक वचून कातर."*

कविता मामाक दाखयली तेन्ना मामा खूश. म्हणूंक लागले, "बरोवन, तातोक धाड, तो कितें म्हणटा तें पळे." पत्राक तातोची रोखडीच जाप आयली - "कविते परस तूं गद्य चड बरें बरयता..."

मामाक ही जाप मातशी 'उमेद बावोवपी' दिसली जावंक जाय. "कविता बाकीबाबाक धाडुया", ताणें म्हळें आनी म्हाका बाकीबाबाक बरोवंक लायलें. कांय दिसांनी बाकीबाबाचें एक कार्ड आयलें, १५ जानेवारी १९७३ ह्या दिसा, पुण्या सावन बरयल्लें. (हें कार्ड हालींच, तातोच्या वाचप-घरांतलें एक पुस्तक घेवन आयिल्लें तातूंत मेळ्ळें.)

"प्रिय नानूक सप्रेम आशिर्वाद. हांव सध्या भोंवडेर आसां. तुजें पत्र बोरये पावलें तेन्ना हांव हांगा पावलों. काल हांगा येतकच तुजें पत्र मेळ्ळें. कविता बरी आसा. तुवें ती छापूंक दिवपाक म्हाका हरकत दिसना. ती तूं चंद्रकांतमामा कडेन धाडून दी.तातो तुका रेगुलार पत्रां बी धाडटा मगो? गोदुबाय कशें आसा? हांव हो म्हयनो सोंपत्यार घरा पावतलों. तुजो, बाकीबाब."

तातोचें मत पेल्यान काडून कविता छापूंक हांव मनांतल्यान तयार नाशिल्लें. पूण मामाक हें कशें पटयतलें? ओग्गी रावलें. कविता खंय तरी छापुनूय आयली. तरी मनांतल्यान दिसतालें, "तातोचेंच खरें...'

सांजचें वोत मोव जातकच तातो वरभर पासयेक वतालो. म्हाका बरोबर घेवन. हो म्हज्या खरेल्या शिक्षणाचो वेळ आसतालो. तातो वाटेर वेगळ्या वेगळ्या विशयांचेर म्हजे कडेन उलयतालो. म्हज्या मनांतले दुबाव, प्रस्न हांव ताचे मुखार उकतें करतालें, अशें आनी हेरूय जायतें कितें... हांव सामकें आतूरतायेन सांजेची वाट पळेतालें, आयजे कोणूय सिरियलांची वाट पळेता तशें. शिमेपायणींतल्यान मडकयचे वाटेर आमी अर्दवर चलत वतालीं आनी तशींच परततालीं. केन्नाय वेलंगेचे वाटेर गोठणा मेरेन वतालीं आनी परततालीं. हे पासयेची हांवें डायरी दवरिल्ली जाल्यार काय बरें जावपाचें, आज दिसता...

धावी जातकच मडगांवां रावंक आयलीं तेन्ना सगल्यांत चड म्हाका फाल्त जाली ती ही पासय. मागीर कोंबांतले लोटलीकार बिल्डिंगेचे आगाशे वयल्यान वा मुंगलार गाडयेच्या पुलाच्या सोंप्यार बसून हांवें सूर्यास्त पळोवचो.

तातोकूय पासयेक हांव फाल्त जातालें काय? केन्ना विचारलें ना... पूण मुखार सुरवेक घरा भायर, उपरांत घराच्या चवक्यांचेरूच तातो पासयो मारूंक लागलो.

''बरो मगो व्हिस्तीद! शिवन घेतला, काय रेडीमेड?''

''घराच शिवला.''

''हय...? कोणें?''

''मामान.''

''तुजो मामा शिंपी?''

''ना... म्हजो मामा लेखक.''

''आनी हो 'मामा' कोण तर...?''

'''हो' मामा न्हय, 'ही' मामा - म्हजी आवय...''

''आवयक तुमी 'मामा' म्हणटात आनी मामाक कितें म्हणटात?''

''तातो.''

'''तातो' काय 'तातॉ'?''

''हरशीं 'तातॉ' जावंक जाय आशिल्लें, पूण आमी 'तातो'च म्हणटात...''

चौगुले कॉलेजींत हांव इकरावेक आशिल्लें तेन्नाची खबर...

'तातॉ'चें 'तातो' कशें जालें काय, हांवें केन्नाय येवजुचें... तातोक 'तातो' नांव आमी - म्हजे पिळगेंतल्या भुरग्यांनी - दवरूंक नाशिल्लें. तातोचीं भावंडांच ताका 'तातो' म्हणटाली. तांचे देखीनूच आमचे जिबेर 'तातो' घोळूंक लागिल्लें. तातोचो पूत गिरीशूय ताका ह्याच नांवान उलो मारतालो. 'तातो' आनी 'सामान्य-रूप' करी नासतना 'तातोक', 'तातोन', 'तातोचो'...

एम्.ए.क भासविज्ञान विशय घेतलो तेन्ना हे 'चुकी'चें ('भास-बदला'चें?) स्पश्टीकरण म्हाका हय-न्हयशें झळकलें. तातोचें आनी ताच्या भावंडांचें भुरगेपण दीवाक गेल्लें. गुजराथींत 'ऑ' ना. आमचो 'घॉडॉ' तांचो 'घोडो'. ह्या 'घोडो'चें सामान्य-रूप जाय नासतनाच ताका विभक्तीचीं कुसां लागतात. ह्याच प्रभावान आमचें 'तातो' घडलां जावं येता. असलीं -ओ न सोंपपी 'भायलीं' पुल्लिंगी उतरां कोंकणींत घोळटात, ना न्हय. देखीक, 'ओरोबिन्दो'. 'तातो' 'ओरोबिन्दो' बशेन, 'तातॉ'चें 'अपभ्रंश' जावं तें मागीर...

कोणें एकल्यान सुरवेक ही 'चूक' केल्ली. पूण आज ती 'आडवाद' जावन शेंकड्यांनी उलोवप्यांचे जिबेर घोळटा.

आमचो 'तातो' सगळ्या 'तात्यां' परस वेगळो. एकमेवाद्वितीय!